आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date : 29/11/2025 6.30 PM

राष्ट्रीय खबरो

35

उपराष्ट्रपती सी.पी.राधाकृष्णन फाल्यां कुरुक्षेत्राक भेट दितले. ह्यावेळार ते नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नॉलॉजी च्या 20व्या दीक्षांत सुवाल्याक मुखेल सोयरो म्हूण हाजीर रावपाचे आसात. तशेंच आंतरराश्ट्रीय गीता महोत्सवाच्या निमतान आयोजीत केल्ल्या अखिल भारतीय देवस्थान परिशदेक ते हाजीर रावतले.

५०

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आज पुलीस महासंचालक आनी महानिरीक्षकचे 60वे अखिल भारतीय परिशदेची येज्मान्की चलयली . तीन दिसांच्या परिशदेची सुरवात काल छत्तीसगडांतल्या नवा रायपूरांत जाली. केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी परिशदेचें उक्तावण केलें. देशातली अंतर्गत सुरक्षा आव्हानां सोडोवंप, समस्या आणि आव्हानां वळखपासयत धोरणां तयार करपा मेरेन,ही परिषद एक मुखेल माची म्हण उदेल्या अशे तांणी म्हळे.

४०

वेंचणूक आयोगान आयज सांगलें, वेचणूक वेळेरेतल्या खाशेलो सघन सुदारणा (एसआयआरच्या दुसऱ्या पावन्ड्यार 99.53 टक्के मतदारांकं गणना फॉर्म वांटल्यात अशें सांगलां. आतां मेरेन 50 कोटी 73 लाखां परस चड मतदारांक गणना फॉर्म वांटल्यात.तशेच वत्त 40 कोटी अर्जचे डिजिटायझेशन केला अशें आयोगान सांगलें.

60

केंद्र सरकारान सोमारा सावन सुरू जावपी संसदेच्या शिंयाळया अधिवेशनाच्या पयली फाल्यां सर्वपक्षीय बसका आपयल्यात . हे बसकेंत, अधिवेशनावेळार लोकसभा आनी राज्यसभा सुचारूपणान चलपा खातीर सरकार सगल्या राजकी पक्षांकडल्यान सहकार्याची मागणी करतलें. संसदेचे शिंयाळ अधिवेशन सोमारा सुरू जातलें आनी 19 डिसेंबर मेरेन चलतलें.अधिवेशनांत जायते म्हत्वाचे कायदे चर्चा आनी मान्यताये खातीर घेवपाची आस्त आसा.

३५सध्या भारत उदरगतीच्या मार्गाचेर नेटान मुखार वता तें पळयल्यार तरणाट्यांनी उमेदीन रावप म्हत्वाचें आस अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी म्हटलां. उत्तराखंडांतल्या लाल बहादूर शास्त्री राष्ट्रीय प्रशासन अकादमीच्या शंबरव्या फावंडेशन अभ्यासक्रमाच्या समारोप कार्यावळींत ते उलयताले. हेवीशी आमच्या खबराकारान चड म्हयाती दिली

35

सत्तीची सुरक्ष सुदारणा पुराय जाय मेरेन भारतांतल्या एअरबस ए320 वरवी चलयल्लीं सगळीं विमानां बेगोबेग स्थगीत करपाचो आदेश नागरी विमान महासंचालन दिला. संवसारभरांतल्या हजारांनी ए320 प्रकारच्या विमानांचेर संभाव्य सौर किरणोत्सर्गाचो धोको आशिल्ल्याचें दिसून आयिल्ल्यान हो आदेश जारी केला . हेवीशी आमच्या खबराकारान म्हयाती दिली.

८०

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां सकाळी इकरा वरांचेर आकाशवाणीच्या 'मन की बात' कार्यावळींतल्यान देशवासियान कडेन आपले विचार मांडतले. आकाशवाणीच्या म्हयन्याळ्या मन की बात' कार्यावळीचो हो 128 वो भाग आसा . आकाशवाणी आनी दूरदर्शनाचे पुराय नेटवर्क, AIR न्यूज वेबसायट आनी न्यूज ऑन एयर मोबायल ॲपाचेर ही कार्यावळ प्रसारीत जातली . तशेंच AIR न्यूज, डीडी न्यूज, प्रधानमंत्री कार्यालय आनी म्हायती आनी प्रसारण मंत्रालयाच्या युट्युब चॅनलांचेरुय ताचे थेट प्रसारण जातले . आकाशवाणीचेर हिंदी प्रसारणा उपरांत रोखडीच प्रादेशिक भाशांनी ही कार्यावळ प्रसारीत जातली.

हवामान ४०

दित्वा चक्रीवादलाच्या फाटभूयेर भारतीय हवामान खात्यान तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी लागसारच्या दक्षिण आंध्र प्रदेशाच्या दर्यादेगांचेर उटागराच्या पावसाखातीर रेड अलर्ट जारी केला. फाल्यां सकाळीं मेरेन हे चक्रीवादळ वायव्येक वचून बंगालच्या नैऋत्य खाडींत पावपाची शक्यताय खात्यान उक्तायला. तशेच सोमारा मेरेन ह्या वाठारांतल्या नुस्तेमारांनि दर्यांत वचे न्ही अशी शिटकावाणी खात्यान दिल्या. मजगतीं भारतानचक्रीवादळ बादित श्रीलंकेक मजतीखातीर ऑपरेशन सागर बंधू सुरू केला. हे कारवाये खाला 80 टन वैजकी

पुरवण घेवन एक खाशेलें विमान श्रीलंकेंत पावलां, जाल्यार आनीक एक विमान बेगीनूच पावतलें. हेवीशी आमच्या खबराकारान सांगले .
मजगती प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी चक्रीवादळ न जाल्या लुकसाणाविशी दुख्ख उक्तायला आनी श्रीलंकेक मजत दिवपाक आपली वचनबद्धताय परतून उक्तायल्या.
स्पोट्‌र्स 25

मलेशियातल्या सुलतान अझलान शाह स्टेडियमांत जाल्ले हॉकी खेळत भारतान कॅनडाचेर 14आड 3 अशे उत्कृश्ट जैत जोडून फायनलींत पावलं घातला

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या.